Panaji regional 15 may 2026 at 7.20 pm

नमस्कार आकाशावणी पणजी प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी

हयो आसात काय मुखेल खबरो

- मुखेलमत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी आयज उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या ' प्रयोग ' ह्या उपक्रमाचो शुभारंभ जाालो.
- आत्मनिर्भर भारत स्वयंपुर्ण गोंय करतना गोंयच्या शेतकी मळाक सैमिक आनी प्राकृतिक पध्दतीचो उपेग करप महत्वाचे आसा अशे मुखेलमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणी म्हणला
- 'खण सुरक्षा महासंचालनालया'च्या मार्गदर्शनाखाला , बेचाळीसाव्या 'खण सुरक्षा सप्तकाचो समारोप सुवळो आज गोयात जलो

मुखेलमत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी आयज उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या ' प्रयोग ' ह्या उपक्रमाचो शुभारंभ जाालो. आल्तीनोवेल्या तांच्या राबित्या घरांत ही कार्यावळ जाली. प्रयोग म्हळ्यार - Promoting Research Among Youth of Goa ह्या उपक्रमा अंतर्गत गोंयच्या विद्यार्थ्यांमदीं संशोधन संस्कृती, नवकल्पना आनी वैज्ञानिक विचारसरणीक घटाय दिवप हो मुखेल हेत आसा.
ह्या उपक्रमात पदवी आनी पदव्युत्तर विद्यार्थ्यांक संशोधनाची पद्दत , माहिती विश्लेशण , समस्या निवारण , अहवाल लेखन, प्रकाशन आनी पेटंट मेळोवपाच्या संदर्भांत मार्गदर्शन मेळटलें. तशेंच, वेगवेगळ्या विशयांतल्या तज्ञ मार्गदर्शकां/वांगडा आनी संशोधकां वांगडा विद्यार्थ्यांक जोडपाचें कामय हो उपक्रम करतलो.

आत्मनिर्भर भारत स्वयंपुर्ण गोंय करतना गोंयच्या शेतकी मळार  सैमिक आनी प्राकृतिक पध्दतीचो उपेग करप महत्वाचे आसा. गोंयची खाजन शेती, काजु, कुळागरा, भातशेती  ही आमी सैमिक  रित्या organic  फार्मिंगातल्यान ह्या पयलीय  केला.  आता परत एकदा प्राकृतिक शेती करपाक  शेताकाररांनी , बागायत/कारांनी मुखार सरप गरजेचे आसा अशे मुखएलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला

 सैमिक सारे पिकावळीखातीर वापरचे, शेणखत, तशेचं  हेर तऱ्हेन केल्ले खत  गोंयची पिकावळ वाडोवपाक सगल्या गोंयकारांनी फुडाकार घेवचे अशे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आत्मनिर्भर भारत तयार करपाचो उलो मारला. भारत देश हेर देशातल्यान सारे आयात करता, मात सध्याच्य आखाती देशाच्या गेर्राच्या फांटभुयेंर केमिकल बेस्ड सारे वापरपाचे सोडून सैमिक शेती करपाचो उलो ह्यानपयली प्रदानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मारिल्लो. ते फांटभुयेरं आयज गोंयचे मुखेलमंत्री हांणी गोंयच्या शेतकारांक संबंधित आवाहन केला.

राज्यांत नवें पशुवैद्यकीय महाविद्यालय सुरू जावपाचें आसा, तरी गोंयच्या विद्यार्थ्यांखातीर महाराष्ट्रांतल्या 'महाराष्ट्र पशू व मत्स्य विज्ञान विद्यापीठ' , नागपूर हांगा आशिल्ल्यो आरक्षित ११ सुवाती तशोच चालू उरतल्यो , अशी म्हायती राज्य तांत्रिक शिक्षण संचालनालयान दिल्या. जो मेरेन गोंय सरकार नव्या महाविद्यालयाच्या प्रवेशा विशीं अधिकृत अधिसूचना जारी करीना आनी सगळी वेवस्था पूर्ण जायना, तो मेरेन ही पोरनी वेवस्था तशीच चालू उरतली. कुर्टी

हांगाच्या पशुवैद्यकीय महाविद्यालयांत प्रवेश प्रक्रिया नेमकी केन्ना सुरू जातली, हाचेविशीं 'dte' बेगीनच अधिकृत कळोवणी जारी करतली.

गोंय सरकारान सरकारी कर्मचारी तशेंच अनुदान शिक्षणीक संस्थांच्या कर्मचाऱ्यांक दितात तो म्हारगाय भत्तो वाडयला. म्हारगाय भत्यात athavn टक्क्यां वयल्यान 60 टक्क्यां मेरेन वाड केला. 1 जानेवारी 2026 सावन सुदारीत डीए लागु जातलो. जाल्यार मे 2026 सावन जानेवारी ते एप्रिल 2026 मेरेनच्या काळा खातीर थकबाकी दितले. वित्त खात्यान शुक्रारा जारी केल्लया आदेशात म्हारगाय भत्तो वाडवपाचो निर्णय घेतिल्लयाचे सरकारान कळीत केला.

Prasad bhatikar
फोंडेचे समाजसेवक आनी काँग्रेसचे फुडारी डॉ. केतन भाटीकर हांका आयज फांतोडेर अकस्मात मरण आयलें. सोरोप चाबून मरण आयले, अशें तांच्या लागींच्या लोकांनी सांगलें.
डॉ. भाटीकर हांणी २०१७ सावन ayshi परस चड रक्तदान शिबिरां घेतिल्लीं. 'रायझिंग फोंडा' वरवीं तांणी सातत्यान समाज वावर केलो.

'खण सुरक्षा महासंचालनालया'च्या मार्गदर्शनाखाला , बेचाळीसाव्या 'खण सुरक्षा सप्तकाचो समारोप सुवळो आज गोयात जलो या कार्यावलीचे आयोजन 'खण सुरक्षा आणि उत्पादकता परिषदे'न केल्ले तर 'फोमेंटो रिसोर्सेस प्रायव्हेट लिमिटेड'न ह्यांचे यजमानपद समबळले
खण सुरक्षा महा/संचालनालयाचे उपमहासंचालक रामाव/तार मीना या कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे महून हाजिर आशीलले . त्यांनी खण क्षेत्रात सुरक्षा मानक चड घटमुत करपाच्या आणि 'शून्य-हानी' ह्या संकल्पनेक चालना दिवपाच्या महत्त्वाचेर भर दिलो

१५ ते २० डिसेंबर २०२५ या कालावधीत आयोजित केलल्या  या कार्यावलीत गोय , सिंधुदुर्ग, कोल्हापूर, रायगड आणि रत्नागिरी हंगाचे  सुमार पन्नास  खण कंपनींनी वाटो घेतीललो .

हे वेळार ulaytaana खण सुरक्षा महासंचालनालयाचे उपमहासंचालक रामावतार मीना  हाणी म्हणले की

ऑल इंडिया ऑर्गनायझेशन ऑफ केमिस्ट्स अँड ड्रगिस्ट्स असोसिएशन, आनी केमिस्ट्स अँड ड्रगिस्ट्स असोसिएशन गोवा (सीडीएजी) हांणी ई-पोर्टला वरवीं वखदांचो बेकायदेशीर विक्रीचो निशेध करपा खातीर 20 मे 2026 दिसा एक दीस बंद करपाचो उलो मारलो. पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदे दरम्यान  संघटनेचे अध्यक्ष अमित कामत हांणी ही म्हायती दील्या

20 मे दीसा गोयांतल्यो फार्मसी बंद आसतल्यो,मात हाॅस्पिटलाच्यो farmaasi उक्त्यो आसतल्यो . हे शिवाय जर आपत्कालीन घटना घडली जाल्यार फार्मास उक्ती करून गरजुक वखदा दीतले अशे कामत  हांणी म्हणला.

कोंकणी चळवळींतले युवा कार्यकर्ते आनी कोंकणी भाशा मंडळाचे आदले कार्यकारी वांगडी तन्मय महेश प्रभुदेसाय हांका काल काळजाच्या आता/कान मरण आयलें. आज त्यांच्या कुडीचेर रिवण हांगा निमणे संस्कार जाले.

वयून म्युझिक वेगवेगळ्या मूळ गझल प्रकल्पांनी सहयोगा खातीर एक बायल गायिका सोदतात जिचे वय ३० वर्सां सकयल आसपाक जाय. गावपी गोयची आसपाक जाय. भारतीय शास्त्रीय संगीताचे प्रशिक्षण घेतिल्यांक खासा प्राधान्य दितले आनी आयोजक मार्गदर्शन करतले. हाचे खातीर योग्य व्यक्तिनी आयोजकाकडे संपर्क साधचो अशे  मेधज धेंपो,गायत्री सराफ आनी अमेय कामत हांणी आवाहन केला. इत्सुकांनी ८२०/८१५/१७८८ ह्या क्रमांकाचेर  मेधज धेंपो हांचे कडे संपर्क करचो वा सोशल mediacher लिंक पळोवचे.

Announcement

आकाशवाणी पणजी ‘कॅज्युअल असाइनीज’, न्यूज रीडर-कम- ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयता. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान आसचें तशेंच इंग्लीश- कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरची आनी ताची पावती जोडून आपलो अर्ज ‘हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

छत्तीसगढच्या नारायणपूरांत जावपी स्वामी विवेकानंद वीस वर्स सकयल्या राष्ट्रीय फुटबॉल सर्तीच्या एच गटांत महाराष्ट्रान गोंयाक 2-0 असो पराभव केलो.

Imd

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ले प्रमाण फल्या गोंय राज्यांतल्या कांय सुवातींनी गडगडपा वांगडा उश्ण आनी दमट हवामानाचो अदमास उक्तायला .

हयो आसात काय मुखेल खबरो

- मुखेलमत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी आयज उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या ' प्रयोग ' ह्या उपक्रमाचो शुभारंभ जाालो.

- आत्मनिर्भर भारत स्वयंपुर्ण गोंय करतना गोंयच्या शेतकी मळाक सैमिक आनी प्राकृतिक पध्दतीचो उपेग करप महत्वाचे आसा अशे मुखेलमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणी म्हणला
- 'खण सुरक्षा महासंचालनालया'च्या मार्गदर्शनाखाला , बेचाळीसाव्या 'खण सुरक्षा सप्तकाचो समारोप सुवळो आज गोयात जलो

आनी इयल्यान हयो खबरो सोपलयो आकाशावणी पणजी केंद्राचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूक मेलटळे फआल्या सकाळी 7 वर पंचवीस mintaancher नमस्कार